**पालकांनी  चली भुरग्याच्या सर्वांगीण विकासाक प्राधान्य दिवपाक जाय – डॉ. गीते**

ता. 11 ऑक्टोबर 2023

पालकांनी आपल्या चली भुरग्याच्या सर्वांगीण विकासाक प्राधान्य दिवपाक जाय. कसलोच भेदभाव करीनासतना पालकांनी तशेंच समाजान चली भुरग्याक शिक्षण, खेळ आनी हेर बऱ्या गजालीखातीर प्रोत्साहन दिवपाक जाय, अशें उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी डॉ. स्नेहा गीते हांणी आयज  भलायकी सेवा संचालनालयाच्या राज्य कुटुंब कल्याण मंडळावतीन पणजे मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत आयोजीत "आंतरराष्ट्रीय चली भुरगे दीस" कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

चली भुरग्याचें हक्क, तांचे सशक्तिकरण आनी तांच्या मुखार आशिल्ल्या आव्हांनाकडेन लक्ष दिवपाच्या बाबतीत आंतरराष्ट्रीय चली भुरगे दिसाक म्हत्व आसा. समाजात आयज लेगीत कांय बाबतीत चली भुरग्याविशीं भेदभाव जातात. समाजात चली भुरग्याचो आदर आनी तांची सुरक्षा म्हत्वाची आसा, अशेंय डॉ. गीते हांणी सांगलें.

मुखेल वैजकीय अधिकारी डॉ. उत्तम देसाय हांणी PC-PNDT आनी बेटी बचाओ बेटी पढावो मोहिमेखाला राबोवपात येवपी विवीध उपक्रमांची म्हायती दिली.

मानसशास्त्र  प्रशिक्षक श्रीमती केतकी परब हांणी आपल्या मुखेल भाशणात चली भुरग्याक  शिक्षणीक, शारीरिक आनी भावनिकदृश्ट्या सक्षम करपाची आनी चली वा चलो हांका समान वागणूक दिवपाची गरज व्यक्त केली.

उपसंचालक डॉ. रुपा नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. कु.श्रद्धा नाईक हांणी कार्यक्रमाचें सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/795

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.